**मोडी लिपयेच्या मुळाव्या घटकांविशीं कार्यशाळा**

ता. 2 नोव्हेंबर 2021

गोंय सरकारच्या राजभाशा संचालनालयान पाच दिसांची मोडी लिपयेच्या मुळाव्या घटकां विशीं कार्यशाळेचें आयोजन केला. मोडी लिपयेच्या लिखाणाची कला आत्मसात करपा खातीर आनी ताचो अर्थ लावपा खातीर मोडी लिपी शिकूंक इत्सूक आशिल्ल्या लोकां खातीर एक मार्गदर्शक साधन म्हणून हे कार्यशाळेचें आयोजन केला. ही कार्यशाळा गोंयकारांखातीर उक्ती आसतली. नांव नोंदणी करपा खातीर निमाणी तारीख 10 नोव्हेंबर 2021 मेरेन वाडयल्या.

ही कार्यशाळा ता. 22 ते 26 नोव्हेंबर 2021 ह्या दिसांनी सकाळीं 10.30 ते दनपरां 12.30 मेरेन चलतली. ही कार्यशाळा गूगल मिटाच्या माध्यमांतल्यान जातली. कार्यशाळेंतल्या वांटेकारांचो आंकडो 40 मेरेन मर्यादीत आसतलो. नोंदणीकृत जाल्ल्या पयल्या 40 वाटेकारांक हे कार्यशाळेंत वांटो घेवंक मेळटलो.

हे कार्यशाळेंत भाग घेवपा खातीर इत्सूक व्यक्तिंनी https://forms.gle/xFgaCdjzEect4n6FA ह्या गूगल फॉर्म लिंका वरवीं ता. 10 नोव्हेंबर 2021 मेरेन आपल्या नांवाची नोंदणी करची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/867

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji